**गोंय लोक सेवा आयोग**

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी', पयलो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी – गोंय 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**17/07/2020 दिसा प्रकाशीत जाल्ले, जायरात क्रमांक 6, वर्स 2020 चें शुध्दीपत्रक**

सकयल दिल्ल्या अनुक्रमांक III. 3 & 4, बंदर कप्तान खात्यांत बदली करून नियुक्ती (लघू कालीन कंत्राटा सयत) पद्धतीन इनचार्ज मरीन स्लीपवे आनी पालवी हायड्रोग्राफीक सर्वेक्षक ह्या दोनूय पदां खातीर, अर्जदारां कडल्यान ऑनलायन अर्ज मागयल्यात. वयर उल्लेख केल्ल्या पदां खातीर सेवाभरती नेम सकयल दिल्ल्या परीन आसतले. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 09 .10.2020 दिसा मेरेन वाडयल्या.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारान आयोगाच्या संकेतथळाचेर उपलब्ध आशिल्ल्यो"सुचोवण्यो" काळजीपूर्वक वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी संचालनालयांत सल्लागार आनी अत्यंत तकनिकी / विज्ञानीक क्षेत्रांतल्या पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्लो योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, आनी हेर सगळे तरेन योग्य आशिल्लो उमेदवार आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोग घडये असल्या उमेदवाराची शिफारस करूंक शकता, आनी सरकाराक ती शिफारस योग्य अशी दिसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर, सरकार ही आवश्यक अट, सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी ही पात्रताय आसल्यार, उमेदवार मुलाखतीक आपोवपा खातीर पात्र आसतलो अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांनी" उल्लेख केल्ल्या प्रमाणें, मुलाखतीक आपोवपा खातीर उमेदवारांची लघू वळेरी, आयोग तयार करतलें.

**III. बंदर कप्तान खातें**

**3. इनचार्ज मरीन स्लीपवे, बदली करून नियुक्ती (लघू कालीन कंत्राटा सयत).. 1 पद**
(Incharge Marine Slipway, by transfer on deputation)

वेतन श्रेणीः रू.9,300-34,800+4,200/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें)
बदली करून नियुक्ती [Transfer on Deputation] (लघू कालीन कंत्राटा सयत):
केंद्रीय/ राज्य सरकार/ संघ प्रदेश / भौशीक उपक्रम, देखीक शिपींग कम्पनी वा मरीन संघटणेंत वा हेरांनी काम करपी अधिकारी,

(a) (i) नियमीत पद्धतीन अनुरूप पद सांबाळपी; वा (ii) रू.1400-2300 (जो वेतन मॅट्रिक्स 5 च्या टप्प्यांत, संबंदीत पूर्व सुदारीत वेतन श्रेणी -PB-1 रू.5200-20200+ रू.2800 G.P) चे श्रेणींतल्या पदाचेर 5 वर्सां नियमीत सेवा केल्लो आसूंक जाय आनी (b) थेट भरती खातीर आशिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आनी अणभव आसूंक जाय. जें -

(i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा ताचे समानक आशिल्ले संस्थेंतल्यान ऑटोमोबायल इंजिनियरींग वा मॅकनिकल/मरीन शाखेंत पदवी/पदविका. (ii) नामनेचें शिपयार्ड / मरीन वर्कशॉपांत मरीन देखरेख /तपास आनी दुरुस्ती /ऑटो डिझल इंजिन /हल (बोटींचो तळ) दुरुस्ती संदर्भांत, पदवी धारकांक 3 वर्सांचो अणभव जाल्यार पदविका धारकांक 5 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

**टीप 1:** उमेदवार बरो शिकिल्लो आनी गुणवत्ता आशिल्लो आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाच्या स्वेच्छाधिकारान पात्रताय सदळ करूंक शकता.

**टीप 2:** निवड प्रक्रियेच्या खंयच्याय पांवड्यार, आरक्षीत आशिल्लीं पदां भरूंक जाय आशिल्ले अणभवी उमेदवार अनुसुचीत जाती आनी अनुसुचीत जमातींतल्या समाजांतले योग्य उमेदवार मेळचे नात अशें गोंय लोक सेवा आयोगाक दिसल्यार, आयोग आपल्या स्वेच्छधिकारान अणभवा संदर्भांतली पात्रताय सदळ करूंक शकता.

(केंद्र सरकाराच्या वा खंयचेय हेर संस्थेंत / खात्यांत हे नियुक्तीची तत्काळ नियुक्ती करपी दुसऱ्या हेर काडरबाह्य पदाचे नियुक्ती काळा सयत नियुक्तीचो काळ 3 वर्सां परस चड आसूंक जायना).

**4. पालवी हायड्रोग्राफीक सर्वेक्षक, बदली करून नियुक्ती (लघू कालीन कंत्राटा सयत).. 1 पद**
(Deputy Hydrographic Surveyor, by transfer on deputation)

केंद्रीय/ राज्य सरकार/ संघ प्रदेश / विद्यापीठ/ मान्यताय प्राप्त संशोधन संस्था/ भौशीक उपक्रम, सांविधीक, निम-सरकारी वा स्वायत्त संघटणांनी काम करपी अधिकार.

(a) (i) नियमीत पद्धतीन अनुरूप पद सांबाळपी; वा (ii) रू.2000-3500 (जो वेतन मॅट्रिक्स 6 च्या टप्प्यांत, संबंदीत पूर्व सुदारीत वेतन श्रेणी -PB-2 रू.9300-34800+ रू.4200 G.P) चे श्रेणींतल्या पदाचेर 5 वर्सां नियमीत सेवा केल्लो आसूंक जाय वा समानक; वा ( iii) रू.1640-2900 (जो वेतन मॅट्रिक्स 6 च्या टप्प्यांत, संबंदीत पूर्व सुदारीत वेतन श्रेणी - PB-2 रू.9300-34800+ रू.4200 G.P) चे श्रेणींतल्या पदाचेर 10 वर्सां नियमीत सेवा केल्लो आसूंक जाय वा समानक; आनी

(b) थेट भरती खातीर आशिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आनी अणभव आसूंक जाय. जें ,

(i) इन्सटिट्यूशन ऑफ सर्वेयर्स (भारत) हांच्या उप-विभाग- I (ब) हायड्रोग्राफीक सर्वेक्षणाचे लायसेंसधारक वांगडी, आनी लायसेंसधारक वांगडीपद मेळयल्या उपरांत, मान्यताय प्राप्त हायड्रोग्राफीक सर्वेक्षण सेवेंत सहाय्यक हायड्रोग्राफीक सर्वेक्षक वा समानक पदाचेर सर्वे करपाचो 5 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

**वा**

भारतीय नवसेनेची सर्वे रॅकॉर्डर 1ली क्लास मेळयल्लो आसूंक जाय आनी भारतीय नवसेनेची सर्वे रॅकॉर्डर 1ली क्लास प्राप्त करतकूच, मान्यताय प्राप्त हायड्रोग्राफीक सर्वेक्षण सेवेंत सहाय्यक हायड्रोग्राफीक सर्वेक्षक वा समानक पदाचेर सर्वे करपाचो 5 वर्सांचो अणभव आसूंक जाय.

(केंद्र सरकाराच्या वा खंयचेय हेर संस्थेंत / खात्यांत तत्काळ नियुक्ती करपी दुसऱ्या हेर काडरबाह्य पदाचे नियुक्ती काळा सयत नियुक्तीचो काळ 3 वर्सां परस चड आसूंक जायना. थेट बडटीचे वळेरींत आशिल्ले फीडर श्रेणींतले, खात्यांतले अधिकारी, हे असले तरेचे बदली करून केल्ले नियुक्ती खातीर पात्र आसचे नात. तशेंच, बदली करून केल्ले नियुक्तीचे पदाधिकारी, बडटी खातीर पात्र जावचे नात).

**टीपः ज्या उमेदवारांनी पयलीं अर्ज केला, तांणी परत अर्ज करपाची गरज ना.**